**मुख्यमंत्र्याकडल्यान गोंयच्या लोकांक स्वातंत्र्य दिसाची परबीं**

ता. 14 ऑगस्ट 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या लोकांक 75 व्या स्वातंत्र्य दिसाची परबीं भेटयल्या. मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, " भारतीय स्वातंत्र्याचे हे वर्स आमी आजादी का अमृत महोत्सव वर्स म्हुण मनयतात, हांव ह्या खुशालकायेच्या प्रसंगार म्हज्या सगळ्यां मोगाळ गोंयकारांक हुनहुनीत परबीं भेटयता. आमच्या भारत देशाच्या स्वातंत्र्या खातीर आपल्या जीणेचो त्याग केल्ल्या समस्त राष्ट्रभक्त फुडाऱ्यांक हांव नमन करता. आयज आमी एक राष्ट्र म्हुण वाटचाल करतना तांचे शौर्य आनी धाडसा पासून प्रेरणा घेवया आनी समाज आनी देशाच्या विकासा खातीर एकजूटीन वावर करूया.

फाटले देड वर्स सबंद जग कोवीड म्हामारीच्या आव्हानाक तोंड दिता. ह्या म्हामारीच्या काळांत देशाच्या विकासा खातीर प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी आत्मनिर्भर भारताचो नारो दिलो आनी ह्या अभियानाक अनुसरून राज्य सरकारान स्वयंपुर्ण गोंय मोहिम सुरू केल्या. हांव ह्या प्रसंगार गोंयच्या समस्त नागरिकांक कोवीड म्हामारीच्या संकटाच्या परिस्थितीत राज्यांत शांतीकाय आनी एकजूट राखून राज्य आनी देशाच्या विकासाखातीर समर्पित जावपाचो उलो मारता, अशे मुख्यमंत्री म्हणटा.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/689

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji